## स्टार्ट-अप्स आनी आयटी उद्देगांक प्रोत्साहन दिवपाखातीर सल्लागार मंडळाची स्थापणूक

ता. 13 जुलय 2022

सरकारान राज्यांत स्टार्ट-अप आनी आयटी उद्योगांक चालना दिवपाखातीर म्हायती तंत्रज्ञान सल्लागार मंडळाची स्थापणूक केल्या. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे मंडळाचे अध्यक्ष जाल्यार आयटी मंत्री श्री रोहन खंवटे उपाध्यक्ष आसात.

IT सल्लागार मंडळ राज्यांत स्टार्टअप आनी मजबूत आयटी इकोसिस्टम निर्माण करपाखातीर आवश्यक उपाय येवजणांविशीं सल्लो दितले जे वरवीं शाश्वत आर्थिक विकास आनी मोठ्या प्रमाणात रोजगाराच्यो संधी निर्माण करपाक मदत जातली.

म्हायती तंत्रज्ञान सचीव, आरीन कॅपिटलचे जोड-संस्थापक आनी अध्यक्ष श्री मोहनदास पै; गोंय लोकसेवा आयोगाचे अध्यक्ष श्री. जुजे मान्युएल नोरोन्हा; धेम्पो ग्रुप ऑफ कंपनीचे अध्यक्ष श्री. श्रीनिवास धेम्पो; Visteon Corporation, अध्यक्ष आनी CO श्री. सचिन लवंदे; इव्हॉल्व्ह आयटी स्ट्रॅटेजीजचे डायरेक्टर आनी प्रिन्सिपल कन्सल्टंट श्री. रायन कार्व्हालो; इक्विटीज, PINC रिसर्चचे कार्यकारी संचालक श्री. संदीप शेणॉय; गोवा इन्स्टिट्यूट ऑफ मॅनेजमेंटचे प्रा.राकेश श्रीवास्तव; बीटस् पिलानीचे प्रो. भरत देशपांडे, गोवा कॅम्पसाचे के. के बिर्ला, इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी (आयआयटी) गोवा, डॉ. शरद सिन्हा, सहयोगी प्राध्यापक, नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी (एनआयटी) गोवा, डॉ. दामोदर रेड्डी वेवस्थापकीय संचालक , मेसर्स इन्फो टेक कॉर्पोरेशन ऑफ गोवा हे मंडळाचे हेर वांगडी आसात जाल्यार माहिती तंत्रज्ञान खात्याचे संचालक मंडळाचे वांगडी सचीव आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/461

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji